प्रादेशिक खबरो

09.07.2025 7.20 pm

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे अध्यक्षते खाला आयज मंत्रालयांत खूपशे निर्णय जाले

आयआरसीटी वतीन अंदू वर्सा अष्ट ज्योतिर्लिंग श्रावण स्पेशल यात्रेचे आयाजन केला

कोंकणी मळार मोलादीक वावर केल्ल्या दिवपी अखिल भारतीय कोंकणी परिषदेचो माधव मंजुनाथ शानभाग यादस्तीक जीवन गौरव पुरस्कार अंदू वर्सा सर्गेस्त रॉकी मिरांड हांकां जाहीर केला

मुखावेले 2 दिवस मध्य भारतात पावस पड़प चालुच उरपाची शक्यताय आसा अशे भारतीय हवामान विभागान म्हणला

गणेश 130

रॉटविलर, पिटबूल अश्या हिंसक सुण्यांचेर बंदी घालपाक येत्या पावसाळी अधिवेशनांत सरकार खास विधेयक मांडटलें. मंत्रिमंडळान गोवा पशू प्रजनन आनी घरगुती नियमन आनी लुकसाण भरपाय विधेयकाक मान्यताय दिल्या, अशी म्हायती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिली. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे अध्यक्षते खाला आयज मंत्रालयांत मंत्रिमंडळाची बसका जाली. उपरांत मुखेलमंत्री सावंत हांणी ह्या निर्णयांची म्हायती पत्रकार परिशदेंत दिली. वेवसाय सुलभीकरणाच्या हेतान कारखानो आनी बाष्पक दुरूस्ती विधेयकूय सादर जातलें. गोवा वैजकी महाविद्यालय हॉस्पिटल आनी गोंय दांत महाविद्यालयांत दोतोर आनी नर्सींचीं पदां कंत्राटी पद्धतीचेर भरपाक मंत्रिमंडळान मान्यताय दिल्या. कार्डिओलॉजीस्ट सयत तज्ञ दोतोर आनी नर्सी मेळून गोंय वैजकी महाविद्यालयांत १७० पदां कंत्राटाचेर भरतले जाल्यार दांत महाविद्यालयांत प्राध्यापकांचीं १० पदां कंत्राटाचेर भरतले. अभियोक्ता संचालनालयांत १३ पदां तयार करपाक मान्यताय दिली. राष्ट्रीय सेवा येवजणे खातीर (एनएसएस) स्वतंत्र विभाग स्थापन करतले. राज्य पर्यावरण आनी हवामान बदल खात्यांत वैज्ञानीक अधिकाऱ्यांचीं पदां भरतले.

सुशांत 160

आयआरसीटी म्हळयारच इंडियन रेल्वे कॅटरिंग अँड टुरिझम कॉर्पोरेशन वतीन अंदू वर्सा अष्ट ज्योतिर्लिंग श्रावण स्पेशल यात्रेचे आयाजन केला भारत गौरव स्पेशल टुरिस्ट रेल गाडयेन ही यात्रा जातली. आयज मडगांवां घेतिल्ल्या पत्रकार परिशदेत आयआरसीटीचे जनसंपर्क

अधिकारी ए. के. सिंग हांणी ही म्हायती दिली. ह्यावेळार कोंकण रेल्वे म्हामंडळाचे जनसंपर्क अधिकारी बबन घाटगे हेय ह्यावेळार हाजीर आशिल्ले. ही यात्रा १२ राती आणि १३ दीस जातली तातूंत द्वारकेचे द्वारकाधिश आणि नागेश्वर ज्योतिर्लिंग, वेरावळचे सोमनाथ , उज्जैनचे महाकालेश्वर आनी ओमकारेश्वर ज्योतिर्लिंग मंदीर, नाशिकचे त्यंबकेश्वर , औरंगाबादचे घृणेश्वर , परभणीचे परळी वैज्यनाथ ज्योतिर्लिंग आनी मार्कापूरचे श्री शैलम मल्लिकार्जुन ज्योतिर्लिंग मंदिराचो आस्पाव आसा . ५ ऑगस्ट सावन ही यात्रा सुरु जातली. मडगाव, थिवी, सावंतवाडी, कुडाळ, वैभववाडी, राजापूर राेड, रत्नागिरी, चिपळूण, रोहा, पेण आनी पनवेल हांगासावन भाविकांक ह्या रेल गाडयेत बसपाक मेळटले. ह्या यात्रेक स्लिपर इकॉनॉमी डब्यातल्यान प्रवास करप्यांक २३८८० रुपये, ३ एसी स्टँडर्ड डब्यातल्यान प्रवास करप्यांक ४१ हजार ६० रुपये जाल्यार २ एसी कम्फर्ट डब्यांतल्यान प्रवास करप्यांक ५४६६० रुपये भाडे आकारतले. अशें सिंग हांणी सांगलें.

सुशांत 130

कोंकणी मळार मोलादीक वावर केल्ल्याक दिवपी अखिल भारतीय कोंकणी परिषदेचो माधव मंजुनाथ शानभाग यादस्तीक जीवन गौरव पुरस्कार अंदू वर्सा सर्गेस्त रॉकी मिरांड हांकां जाहीर केला. 13 जुलयाक पुण्यांत जावपी अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या स्थापणूक दिसा तांच्या कुटुंबाक हो पुरस्कार भेटयतले अशें अखिल भारतीय कोंकणी परिषदेत उजवाडाक दिल्ल्या खबरेत म्हळा.

निगडी-चिंचवड हांगाच्या सिटी प्रायड शाळेच्या सभाघरांत ही कार्यावळ जातली. ह्यावेळार पुण्यात रावन कोंकणी खातीर काम करपी काेशकार इझिदोर दांतास, संशोधक वामन नायक, शिक्षणतज्ञ डॉ. अश्विनी कुलकर्णी, साहित्यीक विजयानंद गायतोंडे आनी कोंकणी कार्यकर्ते आल्फी मोन्तेरो हांचो भोवमान करपाचे आसात.

ह्या कार्यावळीक गोवा कोंकणी अकादेमीचे अध्यक्ष पूर्णानंद च्यारी हे मुखेल सोयरे म्हूण जाल्यार केंद्रीय साहित्य अकादेमीचे कोंकणी विभागाचे निमंत्रक मेलवीन रॉड्रिगीस अध्यक्ष म्हूण उपस्थित आसतले भारतांतल्या कोंकणी लोकांचो एकचार ह्या विशयाचेर ह्या कार्यावळीत परिसंवाद जावपाचो आसा. महाराष्ट्र, कर्नाटक, केरळ आनी गोंयचे प्रतिनिधी हे कार्यावळींत वांटो घेतले.

DIP 160

उद्देगीक कामगारांच्या कल्याणा खातीर चालीक लायिल्ल्या वेगवेगळया कल्याणकारी येवजण्यांचो लाव घेवपा खातीर गोंय कामगार कल्याण मंडळान उद्देगीक कामगारांक अर्ज मागयल्यात. गोंय कामगार कल्याण मंडळ उद्देगीक कामगार/कर्मचाऱ्यांच्या आनी पयली ते चवथी वर्गांत शिकपी भुरग्यांक शाळेंत वचपी भुरग्यांक गणवेशाचो संच दिवपा खातीर पाठ्यपुस्तकां/नोटबुक खरेदी करपा खातीर अर्थीक मजत दिवप अशो वेगवेगळी येवजण चालीक लायता. वेगवेगळया आस्थापनांतल्या उद्देगीक कामगारांक/कर्मचाऱ्यांच्या शाळेंत/म्हाविद्यालयांतल्या भुरग्यांक शिश्यवृत्ती दिवपाची येवजण, धावि वर्गा सावन मंडळांनी/विद्यापीठांनी केल्ली निमाणी परिक्षा पास जाल्ल्या कामगारांच्या भुरग्यांक मेळिल्ल्या गूणांच्या टक्केवारीचेर आदारीत प्रोत्साहन भत्तो दिवपाची येवजण, शाळांनी/कॉलेजांनी आदी हाजीरीचेर आदारीत प्रोत्साहन/आर्थीक मजत दिवपाची येवजण. पांचविच्या वर्गांत आनी ताचे वयर शिक्षणाच्या खंयच्याय फांट्यांत शिकपी बायल विद्यार्थ्यांक, अर्ज सादर करपाची निमाणी तारीक 30 सप्टेंबर 2025 आसा. तशेंच चश्मे खरेदी करपाक खेळांचे आयोजन समाजीक आनी संस्कृतीक कार्यावळींखातीर, भोंवडेवांगडा अभ्यास दौरा येवजण, भुरग्यांच्या फायद्याखातीर पाळणाघर येवजण, कामावेल्यान काढून उडयील्या कामगारांक आर्थिक सहाय्य दिवपाची योजना आणि स्त्री सखी योजना गोवा कामगार कल्याण कायदो, १९८६ खाला टी.बी डोमिसिलरी उपचार, वेंडिंग मशीन, मानसीक अपंगत्व आशिल्ल्या आनी स्पॅस्टीक भुरग्यांचेर उपचार करपाची येवजण अशो साबार येवजण आसात .

गणेश 120

विद्यालयीन आनी उच्च माध्यमीक विद्यार्थ्यांक वेवसाय मार्गदर्शन (करीअर गायडन्स) करपाक दरेका म्हालांत वेवसाय मार्गदर्शन शिबिरांचें आयोजन करतले. विद्यार्थ्यांक सगल्या मळांचेर करीयर संधींचें मार्गदर्शन मेळपा खातीर राज्य शिक्षण संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळान युनोक आनी नोबेल असोसिएशना वांगडा समजीकाय कबलात केल्या. विद्यार्थ्यांनी ह्या शिबिरांचो चडांत चड प्रमाणांत लाव घेवचो, असो उलो मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी मारलो.

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हाजेरेंत पर्वरी मंत्रालयांत ही कबलात जाली. ह्या वेळार राज्य शिक्षण संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळाची संचालक मेघना शेटगांवकार, युनोकचे अधिकारी धवल गांधी आनी हेर अधिकारी हजर आशिल्ले.

सुर्वेक बारावेच्या सगल्या विद्यार्थ्यां खातीर म्हाल पांवड्यार वेवसाय मार्गदर्शन शिबिरां

जातलीं. कला, वाणीज्य, विज्ञान आनी वेवसायीक ह्या सगल्या फाट्यांच्या विद्यार्थ्यां खातीर दरेका म्हालांत शिबिरां जातलीं. हाचो २० हजारां परस चड विद्यार्थ्यांक लाव जातलो, अशी आस्त मुखेलमंत्र्यांनी उत्तायली.

महेश 70

केंद्र आनी राज्य सरकारांच्या कामगार विरोधी आनी शेतकार विरोधी धोरणां आड केंद्रीय कामगार संघटना आनी शेतकार संघटनांनी केल्ल्या देशभरांतल्या आवाहनाक तेंको दिवपा खातीर आयज पणजेच्या आझाद मैदानांत जाल्ले रॅलींत अखिल भारतीय ट्रेड युनियन काँग्रेसीन वांटो घेतलो. सगळेकडेन विरोध आसून लेगीत भाजपा फुडारपणा खाला एनडीए सरकार सद्याचे कामगार कायदे रद्द करून चार शोशणात्मक कामगार संहिता हाडपाचो यत्न करता हाचेर देशांतल्या कामगार वर्गाक मान्य ना . हयो आनी अशो साबार मागनयो घेवन आयटकान बंदाक तेको दिलो

DIP 50

गृह खात्यान सकाळीं 9.30 वरांचेरकुंकळी  बंडाच्या नायकांक श्रद्धांजली ओपपा खातीर 15 जुलयक नायक हुतात्मा दिवस कार्यावळींत समाज कल्याण मंत्री सुभाष फाल्देसाय आनी हेर मानेस्त  श्रद्धांजली ओपतले. १५ जुलय १५८३ दिसा पोर्तुगेज सत्तेआड गोमंतकीय लोकांनी केल्ल्या बंडाचो उगडास करपाखातीर राज्य सरकार दर वर्सा १५ जुलयाक नायक हुतात्मा दिवस मनयतात.

DIP 40

सुक्ष्म, लहान आणि मध्यम विकास आणि सुविधा कार्यालयान तरंग गोवा एजी-३ च्या सहकार्यान ३१ जुलै ते ३ ऑगस्ट २०२५ मेरेन  हाऊसिंग बोर्ड कॉलनी, दुर्गावाडी ताळगांवा एमएसएमई खतिर  तरंग उत्सव प्रदर्शनाचे आयोजन केला या उत्सवात भाग घेवपाक एमएसएमईकडच्यान  २१ जुलै २०२५ पर्यंत ऑनलाईन अर्ज स्वीकारतले.

DIP 40

कला आणि संस्कृती संचालनालयान गोमंतकीय मिनीएचर पेंटिंग  तशेच संबंधित ईतसूक चित्रकारांक  मार्गदर्शन करपाच्या हेतुन पश्चिम क्षेत्र सांस्कृतिक केंद्र, उदयपूर यांच्या

सहकार्यान सात दिसाचे  मिनीएचर पेंटिंग कार्यशाळेचे आयोजन केला ११ ते १७ जुलै २०२५ मजगती  सकाळी ९.४५ ते दनपार १.३० मेरेन ही कार्यशाळा घेतले

Modi ५0

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी काल ब्राझीलियात ब्राझीलचे अध्यक्ष लुईझ इनासियो लुला दा सिल्वा हांचेकडे चर्चा केली. मोदी हांणी म्हणले की, भारत आणि ब्राझील दहशतवादा आडच्या लढाईबाबत शून्य दुटप्पीपणा हे दोनुय देशांचे विचार एक आसात  Byte

हे वेळार ब्राझीलान मोदींक आपलो सर्वोच्च सन्मान ग्रँड कॉलर ऑफ द नॅशनल ऑर्डर ऑफ द सदर्न क्रॉस प्रदान केलो.byte

स्पोर्ट्स 20

आंबेली स्पोर्ट्स क्लबान बेतालभाटी स्पोर्टिंग क्लबाक 2-1 अशा फरकान हारयलो आनी सिप्रियान सिल्वा आंतर ग्राम फुटबॉल सर्तीच्या फुडल्या फेरयेंत पांवलो. ही सर्त चिचोणेच्या चर्च फुटबॉल मैदानाचेर आयोजीत केल्ली.

IMD 30

राज्यात फुडले सात  दिस काय वाठरांनी व्हडा  प्रमाणात पावस पडू येता वारे वराक 40 ते 50किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 60 किलोमीटर इतलो वाडू येता देखून नुसते मारानी हे काळात खोल दऱ्यांत वचचे न्ही अशे वेधशाळेन कळीत केला